आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date : 07/03/2025 6.30 PM

130

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दमन, दीऊ, दादरा नगर हवेलीच्या सिल्वासात 2हजार 587 कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो. सिलवासात 450 खाटींच्या नमो हॉस्पिटल आनी संशोधन केंद्राचें उक्तावण प्रधानमंत्र्यानी केलें. हाचे वांगडाच केंद्रशासीत प्रदेशांत 1 हजार 75 कोटी रुपया मोलाच्या 25 प्रकल्पांचेंय उक्तावण ताणी केलें. तशेंच 13 प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो, हातूंत दमनांत 300 खाटींची क्षमता आशिल्लें मारवाड हॉस्पिटलाचे 4 ब्लॉक बांदप, राष्ट्रीय म्हामार्ग 848 बीचे रुंदीकरण करप, खानवेलांत उपजिल्हो हॉस्पिटल बांदप, हांचो आस्पाव आसा. उपरांत प्रधानमंत्री सूरतात अन्न सुरक्षा संतृप्ती मोहीम सुरू करतले. सुरतांतल्या सुमार 2 लाख लावार्थ्यांक प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणे खाला फायदे मेळटले. फाल्यां आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान प्रधानमंत्री मोदी नवसारींतल्या 'लखपती दीदी सम्मेलनाक' हाजीर रावतले. प्रधानमंत्री 25 हजारां परस चड आप मजत गटांतल्यान 2.5 लाख बायलांक 450 कोटी रुपया वयर मजत दितले.

60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला वर्स 2027 मेरेन भारताक संवसारांतली तिसरी व्हड अर्थवेवस्था करतले अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलें. केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळ-सीआयएसएफचो 56वो स्थापणूक दीस मनोवपा खातीर आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले. देशांतल्या म्हत्वाच्या संस्थांची राखण करपा खातीर तैनात केल्लो सीआयएसएफ हो राष्ट्राच्या उदरगतीचो म्हत्वाचो भाग आसा अशें ताणी सांगलें. तशे च ताणी सीआयएसएफच्या बायलां पंगडाचीय तोखणाय केली

90

विदेश मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी भारताचो युरोपावंगडा संवाद वाडत आसा अशें सांगले. आयर्लंडांत युनिव्हर्सिटी कॉलेज डब्लिनांतल्या जाल्या उलोवपात ताणी भारतीय अर्थवेवस्थेचे वाडीचेर भर दिलो. हालींच युरोपीय आयोगाची अध्यक्ष उर्सुला वॉन डेर लेन हिणें 21 आयुक्तां वांगडा भारताक केल्ल्या भेटीचो तांणी उगडास केलो. सुमार 23 वर्सां सावन भारत आनी युरोपीय संघ मुक्त वेपार कबलातीचेर वाटाघाटी करता अशें तांणी सांगलें आनी ह्या वर्साच्या निमाणे मेरेन ही प्रक्रिया पुराय जातली अशी आस्त उक्तायली. भारत ही पांचवी व्हडली अर्थवेवस्था आसा आनी ह्या दशकाच्या निमाणे मेरेन ती तिसऱ्या सुवातेर पावतली अशे ताणी म्हटला.

35

बेल्जियमाची राजकन्या एस्ट्रिड हिणें आयज मुंबयच्या राजभवनांत महाराष्ट्राचे राज्यपाल सी पी राधाकृष्णन हांची भेट घेतली. राजकन्या एस्ट्रिड आनी राज्यपाल हांणी मंत्रीमंडळा वांगडा वेवसाय आनी वेपारवाड, पाचवी उर्जा, पर्यटन, शिक्षण आनी संस्कृतीक संबंद अशासाबर प्रस्नांचेर चर्चा केली.

90

जन औषधी दिवस लोकांक उंचेल्या दर्जाचीं आनी परवडपी वखदां दिवपाची, सरकाराची वचनबद्धताय दाखयता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. आतां दर्जेदार वखदां देशाच्या दरेका कोनशाक कशीं पावतात, परवडपी वखदां भारतीय कुटुंबांनी कशीं चड बचत करून दिवपी थारतात आनी भारताचें जन औषधी मॉडेल आतां संवसाराक कशें उर्ब दिता ताची म्हायती ताणी सोशल मिडिया पोस्टांवरवी दिली. तशेंच काळजाचेर करपाचे उपचार आतां पयलीं परस चड परवडपी जल्यात आनी धोपर प्रत्यारोपण करपाचो खर्च उणो जाला अशें तांणी सांगलें. . पीएम नॅशनल डायलिसीस प्रोग्राम किडनी दुयेंती खातीर उपेगी म्हतवाचो जाला अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.

110

केंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी, “अची भी, सस्ती भी” ह्या मंत्रान चलपी प्रधानमंत्री भारतीय जनौषधी परियोजना पीएमबीजेपी सगळ्यांक बरी वैजकी सेवा मेळवन दिता आशे सांगलां. जन औसाधी दिवसाचेर दिल्ल्या संदेशांत तांणी सांगलें की आतां 15 हजारां वयर जन औषधी केंद्रां दर दिसा दशलक्ष लोकांक सेवा दितात, ह्या केंद्रांनी 50 ते 90 टक्क्यांनी कपात केल्ल्या दरांत उच्च दर्जाचीं वखदां दितात. ह्या उपक्रमाक लागून दरेका भारतीयाक गरजेच्यो भलायकी सेवा मेळपाची खात्री करता.

प्रधानमंत्री भारतीय जनौषधी परियोजना परवडपी आनी दर्जेदार वखदांचो नवो मानक थारायता, दरेका नागरिकाक दर्जेदार भलायकी सेवा मेळपाची खात्री करता अशें केंद्रीय भलायकी राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी सांगलें. कोटी लोकांचें जिवीत सुदारून भलायकी मळार हो उपक्रम एक वरदान थारला अशें तांणी सांगलें.

85

भारतीय हवामान खात्यान कोंकण आनी गोंय, केरळ आनी माहे, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक,आंध्र प्रदेशात कांय सुवातानी उश्ण आनी दमट हवामानचो अदमास उक्तायला. ह्या वाठारांनी फाल्यां मेरेन उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती चालू उरतली अशें खात्यान सांगलां. अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी सिक्किमांत कांय सुवातानी वीज पडपा सयत गडगडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. फुडल्या 3 ते 4 दिसांत उत्तर-अस्तंत, मध्य भारत आनी गुजरातातल्या चडांत चड तापमानांत ल्हव ल्हव 3 ते 5 डिग्री सेल्सियस वाड जावपाची शक्यताय आसा अशे imd न म्हळा .

30

फ्रांसांत जाल्या ऑर्लीन्स मास्टर्स सुपर बॅडमिंटन सर्तींत भारताच्या आयुष शेट्टी हाणे दादल्यांच्या एकोट्या गटातल्या क्वार्टर फायनलींत पावल घाला . आयज सांजे तो डेन्मार्कच्या रासमस गेमके वंगडा खेळटलो .

25

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत आयज सांजे साडेसात वरांचेर लखनौंत दिल्ली कॅपिटल्स आनी गुजरात जायंटस पंगडामदीं खेळ जातलो. गूण वळेरीत दिल्ली पयल्या आनी गुजरात तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर नमस्कार